Panaji National 1st October 2026 0840

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींत UPSC च्या शताब्दी सुवाळ्यांत वांटो घेतले.
- केंद्र सरकारान 2027-28 खातीर सगळ्या रब्बी पिकांच्या किमान आधारभूत मोलात (MSP) वाड करपाक मान्यताय दिल्या.
- संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आज नवी दिल्लींत संरक्षण लेखा विभागाच्या 279व्या स्थापनुक दिसाच्या कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले.
- वस्त्रोद्योग क्षेत्रांतल्या उदेपी तंत्रगिन्यानाचेर चर्चा करपा खातीर आयज नवी दिल्लींत वस्त्रोद्योग परिशद जातली.
- भारतीय क्रिकेट पंगडान काल जाल्ले दुसरे वन डे मॅचींत वेस्ट इंडीजाक हारोवन तीन मॅचींचे माळेत 2-0 अशी निर्णायक आघाडी घेतली.

PM UPSC –
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आज नवी दिल्लींतल्या भारत मंडपमांत केंद्रीय लोक सेवा आयोगाच्या (UPSC) शताब्दी सुवाळ्यांत वांटो घेतले. ह्या वेळार ते उपस्थितांक उद्देशून उलोवप करतले. 1926 त स्थापन जाल्ल्या UPSC क 100 वर्सां पुराय जाल्ल्या निमतान फाटल्या वर्सा 1 ऑक्टोबराक सुरू जाल्ल्या वर्सभर सुरू आशिल्ल्या उत्सवाचो समारोप ह्या कार्यावळी त जातलो. मोदी UPSC शताब्दी स्मरणार्थ नाणे, एक स्मरणार्थ टपाल तिकीट आणि “100 Landmark Judgements – Shaping the Policies of UPSC and Public Service Commissions in India” नावाच्या पुस्तकाचे प्रकाशन करतले.

Cabinet –
अर्थीक वेव्हारविशीच्या मंत्रीमंडळ समितीन (CCEA) विपणन हंगाम 2027-28 खातीर सगळ्या अनिवार्य रबी पिकांच्या किमान आधारभूत दरांत (MSP) वाड करपाक मान्यताय दिल्या. केंद्रीय मंत्रीमंडळ बसके उपरांत नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, Byte
मंत्र्यांनी सांगले, CCEAन दिल्ली पोलिसांच्या 'इंटेलिजंट ट्रॅफिक मॅनेजमेंट सिस्टम' (ITMS) या प्रकल्पाच्या अंमलबजावणीक मंजुरी दिल्या; या प्रकल्पाचो अंदाजित खर्च करांसयत 1,789 कोटी रुपयांपेक्षा चड आसा.

ग्रीन एनर्जी कॉरिडॉर (GEC) फेज-3 येवजणेकय मंत्रमंडळांन मान्यताय दिल्या अशें वैष्णवान सांगलें.

PM MSP –
देशभरांतल्या शेतकारांचे उत्पन्न वाडोवपा खातीर काम करतना तांच्या हिताची राखण करपाक सरकार सगळे प्रयत्न करता अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सांगलां. सोशल मीडियाचेर केल्ल्या एका पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, सरकारान 2027-28 ह्या विपणन हंगामाखातीर रब्बी पिकांच्या किमान आधारभूत मोलात (MSP) वाड करपाक मान्यताय दिल्या.

PM Trump –
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी काल व्यापार, संरक्षण, ऊर्जा आनी म्हत्वाच्या तंत्रज्ञाना सयत वेगवेगळ्या क्षेत्रांतल्या द्विपक्षीय सहकार्याचो नियाळ घेतलो. प्रधानमंत्री मोदी हांणी काल सांजवेळार अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांचे कडेन दूरध्वनी वरवीं चर्चा केली.

Shah Punjab –
२०२९ च्या अखेर मेरेन पंजाबाक अंमली पदार्थांपासून मुक्त करतले अशें वरिश्ठ फुडारी आनी केंद्रीय गृह मंत्री अमित शाह हाणी सांगलां. ते काल जालंधरांत 'नशा मुक्त पंजाब रॅलीत' उलयताले. राज्याक अमली पदार्थांच्या संकष्ट पसून मुक्त करपाच्या मुद्द्यार भाजप पंजाबांत येता ती विधानसभा वेंचणूक लढयतलो अशें तांणी सांगलें. भाजप दिल्ली आश्वासना पुराय करता अशेंय तांणी नमूद केले.

Seva Sankalp Abhiyaan 1 Oct -
प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक प्रयत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत, म्हाल आनी सेवा कर म्हळ्यार जीएसटी: एक राष्ट्र एक कर वरवी हो दृष्टिकोन कृतीत कसो हाडलो हाचे एक उदाहरण आम्ही सादर करता.2017 वर्सा लागू केल्ल्या GST चो उद्देश भारतासमोर दीर्घकाळा सावन आशिल्लो एक म्हत्वाचो आर्थिक अडथळो पयस करप हो आशिल्लो. GST च्या पयलीं राज्यांमदीं मालाची वाहतूक करतना परत परत कर तपासणी, कागदपत्रां पूर्ण करप आनी चड वेळ वाट पळोवची गरज पडटाली. ह्या कळावाक लागून भारतातलो लॉजिस्टिक्स खर्च आंतरराष्ट्रीय मानकां परस 2 ते 3 पट चड आशिल्लो. आता लांब पल्ल्याचे ट्रक दिसाक सुमार 300 ते 325 किलोमीटर अंतर पार करतात.

GST लागू जावच्या पयली हे अंतर सुमारे 225 किलोमीटर आशिल्ले. GST क लागून अर्थव्यवस्थेचें औपचारिकीकरण जावपाकय मदत जाल्या. करदात्यांचो आकडो 2017 वर्सा 66 लाख आशिल्लो तो वाडून मे 2026, त 1.6 कोटी जालो.

Def –

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह आज नवी दिल्लींत संरक्षण लेखा विभागाच्या (DAD) 279व्या स्थापनुक दिसाच्या कार्यक्रमाक उपस्थित रावतले. ह्या वेळार संरक्षण मंत्री DAD च्या वेगवेगळ्या IT उपक्रमांचें उद्घाटन करतले.

Textiles –

वस्त्रोद्योग क्षेत्रांतल्या उदेपी तंत्रगिन्यानाचेर चर्चा करपा खातीर आयज नवी दिल्लींत वस्त्रोद्योग परिशद जातली. काल नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना लघु उद्योग भारतीचे राष्ट्रीय सरचिटणीस ओम प्रकाश गुप्ता हांणी सांगलें, ह्या परिशदेंत देशभरांतल्यान कापड क्षेत्रा कडेन संबंदीत आशिल्ले 400 सूक्ष्म आनी ल्हान उद्देग एकठांय येतले. केंद्रीय वस्त्रोद्योग मंत्री गिरिराज सिंग ह्या परिशदेचें उक्तावण करतले अशी म्हायती तांणी दिली. वेगवेगळ्या देशां कडेन मुक्त वेपार कबलात केल्ल्यान नव्यो बाजारपेठ उक्त्यो जावपाची शक्यताय आसा, ह्या कार्यावळींत हो चर्चेचो मुखेल विशय आसतलो अशें गुप्तान सांगलें.

Bankers Book –

Bankers' Books Evidence Act, 2026 आयज सावन लागू जातलो. राष्ट्रपतींनी 13 ऑगस्टाक ह्या कायद्याक मान्यताय दिली.हो नवो कायदो 'बँकर्स बुक्स एव्हिडन्स ॲक्ट, 1891 चो जागो घेतलो. हो कायदो  बँकिंग नोंदींचो पुरावा म्हणून वापरपाखातीर एक आधुनिक कायदेशीर चौकट प्रदान करतलो, जी सध्याच्या बँकिंग कार्यपद्धतींकडेन सुसंगत आसतलो.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) दर्यादेगेवेल्या कर्नाटक, केरळम, माहे, अंतर्गत कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकलात गडगड आनी वीज पडपा वांगडाच उटनगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयएमडीन आयज नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा ह्या वाठारांनी अशीच परिस्थिती आसतली असो अदमास उक्तायला.

Cricket –

भारतीय क्रिकेट पंगडान गुवाहाटीच्या बारसापारा क्रिकेट स्टेडियमार जाल्ले दुसरे वन डे मॅचींत वेस्ट इंडीजाक हारोवन तीन मॅचींचे माळेत 2-0 अशी निर्णायक आघाडी घेतली.

वॅस्ट इंडिज पंगडान दिल्ली 406 धांवड्यांची व्हड मोख भारतान फक्त 43.3 ओव्हरींनी 2 विकेटी व्हगडावन मेळयली.  हे माळेची तिसरी आनी निमाणी मॅच शेनवारा न्यू चंडीगढांत जातली.